**असंघटीत कामगारांच्या नोंदणी खातीर ई-श्रम पोर्टल**

ता. 8 नोव्हेंबर 2021

कामगार आनी रोजगार मंत्रालयांन सगळ्यां प्रकाराच्या असंघटीत कामगारांची नोंदणी करपा खातीर फाटल्या ऑगस्ट म्हयन्यात ई-श्रम- e-SHRAM पोर्टल (https://eshram.gov.in) सुरू केला. असंघटीत कामगारांमदी घरकाम कामगांर, चामार, धोबी, बांदकाम कामगांर, स्थलांतरीत कामगांर, थळावें कामगांर, अंगणवाडी सेवीकां, कृशी कामगांर/शेतकांर, आपरोजगांर कामगांर, रस्त्याकुशीक सामान विकपी, ल्हान दुकानदांर, आशा कामगांर, दुदकांर आनी अशें हेर असंघटीत क्षेत्रांतले कामगांर आनी उद्देगीक तंटो कायदो, 1947 खाला आसपाव नाशिल्ल्या संघटीत क्षेत्रांतल्या कामगारांचो समावेश आसा. असंघटीत कामगारांक केंद्र सरकारावतीन अंमलबजावणी करपात येवपी जीण आनी दुबळेंपण लाव, भलायकी आनी बाळंतपण लाव, जाण्टे वयांत सुरक्षा आनी अशां वेगवेगळ्यां सामाजीक सुरक्षा आनी कल्याणकारी येवजणांचो लाव घेवपाक मेळटा. ह्या पोर्टलाचेर नोंदणी केल्ल्या असंघटीत कामगारांक दोन लाखांमेरन अपघात विम्याचो लाव मेळटा.

ह्या पोर्टलाचेर नोंदणी करपी सगळ्या असंघटीत कामगारांक 12 अंकांचो युनिव्हर्सल नंबर आनी कार्ड दितले, जाचे वरवीं कल्याणकारी येवजणांचो लाव घेवपाक मेळटले. नोंदणी करतना कामगारान आपलो आधारकार्ड दिवपाची गरज आसा. नोंदणीखातीर देशभरांत चार लाख सेवा केंद्रा सुरू केल्ली आसा. असंघटीत कामगारांनी e-SHRAM पोर्टलाचेर (https://eshram.gov.in) स्वता नोंदणी करून केंद्र सरकाराच्या वेगवेगळ्यां सामाजीक सुरक्षा आनी कल्याणकारी येवजणांचो लाव घेवचो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/924

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji